**<u>कोवीड दुयेंसाच्या परिस्थितीक हाताळपाखातीर राज्यपालाकडल्यान सरकाराक पुराय तेंको</u>**

ता. 16 मे 2020

गोंय राज्यातल्या कोवीड दुयेंसाच्या संकटाच्या परिस्थितीक हाताळपाखातीर राज्यपाल श्री. सत्यपाल मलीक हांणी सरकाराक आपलो पुराय तेंको उकतायला आनी कोरोनाच्या दुयेंसा आड झुजपा खातीर विरोधक आनी सगळ्यां संबंदीत यंत्रणांनी एकठाय येवपाचो उलो मारला. सगळ्यांनी एकठाय येवन काम केल्यारच कोरोना दुयेंसाच्या संकटाचेर मात करपाक शकतले, अशें तांणी सांगले.

दैनिकांतल्यान प्रसिध्द जाल्ल्या बातमी पत्रांनी मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हे कोरोना दुयेंसाच्या संकटाची परिस्थिती योग्य तरेन हाताळपाक कमी पडल्यात म्हणपाचो विरोधकांनी आरोप केला आनी राज्यपालाक प्रशासन आपल्या हातात घेवपाची मागणी केल्या. राज्यपालान ह्या आरोपाक हरकत घेतल्या आनी हे बाबतीत वेगवेगळ्यां दैनिकांनी प्रसिध्द जाल्ल्यो बातम्यो अर्थहिन आसात, अशें म्हणला.

मुख्यमंत्री कार्यक्षमतेन प्रशासन चलोवपा वांगडाच कोरोना दुयेंसाची परिस्थिती बरे तरेन हाताळटा. कारोना संसर्गाच्या फाटभुयेंर राज्यात कडक लॉकडावन लागू करून आवश्यक उपाय घेवपाचो राज्य सरकारान घेतिल्लो निर्णय देशातलो एक बरो निर्णय आसा आनी ह्या निर्णयाक लागून गोंयात थळाव्या मनशाक कोरोना संसर्ग जावपाचे वा कम्युनिटी ट्रान्समिशन जावपाचे आडावपाक शकले, अशें राज्यपालान म्हटले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/255

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA